**मुख्यमंत्र्याकडल्यान सेंट फ्रान्सिस झेवियर फेस्तानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं**

ता. 2 डिसेंबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सेंट फ्रान्सिस झेवियर फेस्तानिमतान गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. राज्यांत सेंट फ्रान्सिस झेवियराचे फेस्त व्हडा भक्तिभावान मनयतात. गोंयकांर आनी संवसारभरांतल्या भाविकांच्या काळजात सेंट फ्रान्सिस झेवियर फेस्ताविशीं खाशेली सुवात आसा. फेस्तानिमतान जावपी प्रार्थना सभांक न्हय फकत गोंयचे जाल्यार सबंद भारत आनी संवसारांतलेय भाविक उपस्थित रावतात आनी ताका लागून समाजात एकजूट आनी सलोखो वाडटा. हांव गोंयच्या लोकांक आनी संवसारभरांतल्या भाविकांक फेस्ताची परबीं भेटयता, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/927

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.